**Panaji Regional 5th October 2025 7.25am**

Amit Shah

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी काल ताळगावा डॉ.श्यामा प्रसाद मुखर्जी इंडोर स्टेडियमांत जाल्ल्या कार्यावळींत राज्य सरकाराची मुखेल कल्याणकारी कार्यावळ 'म्हजे घर' येवजणेची सुरवात केली. सरकारी आनी कोमुनीदाद जमनीचेर बांदिल्लीं घरां नियमित करपाचो आनी थंय दीर्घकाळ रावपी लोकांक मालकी हक्क दिवप हो हे येवजणेचो हेत आसा. तशेंच तांणी काल 2,452 कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या प्रकल्पांचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, केंद्रीय राज्यमंत्री श्रीपाद नायक आनी महसूल मंत्री अतनासिओ मोन्सेराते आनी हेर मानेस्ता हाजिरे आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना शाह हाणी म्हळें....

ह्या वेळार उलयतना मुखेलमंत्री सावंत हाणी म्हळें....

केंद्रीय गृहमंत्र्यान राज्यभरांतल्या जायत्या व्हड मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. तातूंत जुंता हाऊस, सांत इनेजचे सरकारी क्वार्टरचो पुनर्विकास, आल्तिनहार नवे सर्किट हाऊस बांदप, फार्मागुदयेर छत्रपती शिवाजी महाराज संग्रहालयाची उदरगत हांचो आस्पाव जाता.

काल उक्तावण केल्ल्या हेर उपक्रमां मदीं उत्तर आनी दक्षिण गोंय जिल्हयां खातीर ई-विटनेस रूम, गोवा पुलीस मोबायल ॲप, 1930 सायबर हेल्पलायन क्लाउड कॉल सेंटर, मोबायल फॉरेंसिक व्हॅन हांचो आस्पाव जाता. तशेंच बांबोळे नव्या डेंटल कॉलेज हॉस्टेलाचें आनी पणजेंतल्या कामपाल ग्रीन स्पेसाचेंय उक्तावण जालें.

-------------------------------------------

UIDAI

भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरणान सात ते १५ वर्सां पिरायेच्या भुरग्यां खातीर आधार बायोमेट्रीक अपडेट शुल्क माफ केलां.इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्रालयान सांगलां की ह्या पिरायेच्या गटा खातीर अनिवार्य बायोमेट्रीक अपडेट शुल्कत सूट 1 ऑक्टोबर सावन चालीक लायल्या आनी ती एक वर्सा खातीर लागू उरतली. ह्या निर्णयाचो देशभरांतल्या सुमार 6 कोटी भुरग्यांक फायदो जातलो असो अदमास आसा.

-------------------------------------------

लोक महोत्सव 2025

कला आनी संस्कृती खातें नवी दिल्लीतल्या ICCR संस्थेच्या जोड पालवान 7 ऑक्टोबराक सांजवेळा 5.00 वरांचेर पणजे कला अकादेमींत " भारताचो 9 वो आंतरराष्ट्रीय लोक महोत्सव 2025" घडोवन हाडटा. कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर ह्या कार्यावळीचे उक्तावण करतले. ह्या वेळार हेर मानेस्त हजर आसतले. पोलंड आनी माल्टाचे आंतरराष्ट्रीय लोकगीत पंगड तशेंच गोंयचे लोकगीत/संगीत पंगड ह्या महोत्सवांत वांटो घेवन आपलीं सादरीकरणां करतले. ह्या कार्यावळींतल्यान आंतरराष्ट्रीय सांस्कृतीक आदान-प्रदानाची संद मेळटली आनी जागतीक सांस्कृतीक कार्यावळींचें केंद्र म्हूण गोंयचो प्रसार जातलो आनी आंतरराष्ट्रीय समुदायां मदले द्विपक्षीय संस्कृतीक संबंद घटमूट जातले.

-------------------------------------------

Weather

गोय वेधशाळे प्रमाण फाटल्या २४ वरांत राज्यांत नैॠत्य मॉन्सून दुबळो आशिल्लो. राज्यात काय सुवातींनी सामको हलको पावस पडलो.गोय वेधशाळेन उक्तायल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडांतचड तापमान 31 degrees celcius आनी उण्यात उणे तापमान 24degrees celcius इतले आसतले.

-------------------------------------------

Sports – TT

एमसीसी अखील गोंय मुख्य मानांकन टेबल टॅनीस सर्तींत ईशान कुलासो, शौर्या देसाय, रुहान शेख, आर्ना लोटलीकार,चंदन कारे, ईशिता कुलासो हांणी आप आपल्या गटांत वस्तादपण जोडलें. मडगांव क्रिकेट क्लबान गोंय टेबल टॅनीस संघटणेच्या सहकार्यान फातोड्डें मल्टीपर्पझ स्टेडियमाचेर सर्तीचें आयोजन केल्लें.

-------------------------------------------

GU

गोय विद्यापीठ 9 ऑक्टोबराक 2.30 वरांचेर दादल्यांचो फुटबॉल पंगड तयार करपा खातीर निवड चांचण्यो घेतले. चांचण्यांनी वांटो घेवपाची इत्सा आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांनी कॉलेजीचें आयडी कार्ड, आधार कार्ड, जल्म प्रमाणपत्र आनी खेळपाची किट घेवन दनपारां 2.00 वरांचेर गोंय विद्यापिठाच्या खेळां विभागांत हाजीर रावचे अशे कळीत केला.

-------------------------------------------